# प्रादेशिक खबरो ११.०९.२०२५ @ ७.२५ am

रश्मी 30

दिवार जुव्याचेंर अशिल्या  पोरणे सप्तकोटेश्वर मंदिर सुवातेर 10 हजार चौखण मिटर जागेत कोटी तिर्थ कोरीटडर उबारपाच्या निर्णयाक गोंय मंत्रिमंडलान मंजुरी दिल्या. गोंय साधन सुविधा उदरगत म्हमंडळावतीन तीर्थ कोटी कोरीडोराचे काम जातले अशी म्हायती ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान दिल्या.

रश्मी 30

लोखण धातुच्या डंप वेवस्थापन आनी हाताळणी विशीं सरकाराक सल्लो दिवपा खातीर द एनर्जी अँड रिसोर्स इन्स्टिट्यूट (टेरी) कडे कबलात करपाचो निर्णयाक मंत्रीमंडळान मान्यताय दिल्या अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणं दिल्या. Byte टेरी

गणेश 60

सभापतींची निवड करपा खातीर 25 सप्टेंबराक विधानसभेचे एक दिसाचे अधिवेशन जातलें सभापतीपदा खातीर 25 सप्टेंबराक जावपी वेंचणुकेत विरोधी गटा वतीन  काँग्रेसीचे आमदार एल्टन डिकोस्ता हांणी उमेदवारी अर्ज सादर केलो. सरकार पक्षाचो उमेदवार आजून थारपाचो आसा. सरकार पक्ष 23 सप्टेंबराक उमेदवार अर्ज भरतलो, अशी म्हायती मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत

हांणी पत्रकार परिशदेंत दिली.रमेश तवडकार हांणी सभापतीपदाचो राजीनामो दिल्या उपरांत सभापतीपद खाली आसा.

रश्मी 100

थळाव्या रोजगाराचेर लक्ष केंद्रीत करून आणि गोवा एक व्हड वेपारी केंद्र जावचे देखून THE GOA STATE lologistic and warehousing INCENTIVE SCHEME हया येवजणेक मंत्रीमंडळान मान्यताय दिल्या. उण्यांत उणे 60% गोंयकार कामगारांक काम दिवपी कंपनींक पुराय फायद्या खातीर पात्र थारतले, जाल्यार 40% ते 60% गोंयकारांक कामाक घेवपी कंपनींक आंशिक फायदे मेळटले. दर गोंयकार कामगाराक ₹5,000 कुशळटाय उदरगत अनुदान दितले, तशेंच गुणवत्ता प्रमाणीकरणा खातीर अनुदान, logistic and warehousing खातीर सॉफ्टवॅर अपग्रेड करपा खातीर ₹2 लाख मेरेन अनुदान, आनी ₹5,000 मेरेन ट्रॅकिंग सेवा आदार दितले. मेगा प्रकल्पां खातीरय हे येवजणेंत आसपाव केला. warehouse and logistic येवजण आनीकुय सुटसुटीत जावंक जाय अशे मंत्री मावीन गुदिन्ह हांणी म्हळां

रश्मी 90

ॲप एग्रीगेटर बाबतीन टॅक्सी ऑपरेटरांक विस्वासांत घेतलो अशे जेन्ना सरकारान स्पश्टपणान सांगलां तेन्ना गोंय विधानसभा

भायर निशेध करपाचो प्रस्नुच येना.टॅक्सीकारांनी सरकार आनी म्हजेर विस्वास दवरचो. आमी taxi app aggregator मसुद्याचेर परतून काम सुरू केला. टॅक्सी वेवसायीकांनी सचीवालया भायर येवन रावून गरजे भायर स्वतचो वेळ पेड्यार करचो न्ही. अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.

MD 50

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 32 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 24.6 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले काय दिस हल्को ते मध्यम प्रमाणात पावस पडू येता. वारे वराक 45 ते 55 किलो मिटर वेगान व्हावतले ताचो वेग 65 किलोमीटर इतलो वाडू येता अशे वेधशाळेन कळीत केला

Sports dip 50

टेबल टेनिस, योग आणि सेपेक टेकरो हाचे खातीर पंगड तयार करपा खातीर गोंय विद्यापीठ निवड चांचण्यो/प्रीस्क्रीनिंग आयोजित करतले. 18 सप्टेंबर क टेबल टेनिसा खातीर निवड चांचण्यो दनपारां 3.00 वरांचेर SAG काम्पल इनडोर मल्टीपर्स स्टेडियम, पणजी, 19 सप्टेंबर क योगा आनी 30 सप्टेंबर क सेपेक टेकरो खातीर निवड चांचण्यो सकाळीं 10.00 वरांचेर डॉ.श्यामा प्रसाद मुखर्जी इनडोर स्टेडियमांत जातली.